**वेर्णेच्या म्हाळसा नारायणी देवस्थान प्राकारात एकात्म भारत केंद्राची थापणूक करपाविशीं बसकेत चर्चा**

ता. 17 जुलय 2023

पुरातत्व आनी पुराभिलेख खात्याचे मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय हांणी आयज पुरातत्व आनी पुराभिलेख खात्याचे अधिकारी आनी वेर्णेच्या श्री म्हाळसा नारायणी देवस्थानच्या ट्रस्टींवांगडा बसका घेवन वेर्णेच्या श्री म्हाळसा नारायणी देवस्थान प्राकारात एकात्म भारत केंद्राची थापणूक करपाविशीं चर्चा केली. ह्या प्रकल्पात भारताचो पुरातन इतिहास, संस्कृती, भारत मातेचो पुतळो आनी हेर कला-संस्कृती प्रदर्शनाचे वस्तुसंग्रहालय आसतले.

श्री. सुभाष फळदेसाय हांणी सांगलें, एकात्म भारत हो राष्ट्रीय प्रकल्पाचो भाग आसा आनी लोकांमदी देशभक्तीची भावना वाडोवप आनी देशाची पुरातन संस्कृती पुनर्जीवीत करपाच्या उद्देशान ह्या प्रकल्पाची थापणूक करपात येतली. ह्या प्रकल्पाक केंद्र सरकाराकडल्यान अर्थीक पालव मेळोवपा खातीर मंत्र्यान पुरातत्व आनी पुराभिलेख खात्याच्या अधिकाऱ्यांक प्रकल्पाचो अहवाल तयार करपाचे काम हातात घेवपाक सांगलें.

वेर्णेच्या श्री म्हाळसा नारायणी देवस्थान प्राकारात विकासाची कामां करपा खातीर आदल्या सरकारान कांय प्रकल्पांक मान्यताय दिल्ली, त्या कामांविशींय बसकेत चर्चा जाली.

श्री. सुभाष फळदेसाय हांणी देवस्थान परिसरातल्या नुपूर झरीक भेट दिवन झरीची पळोवणी केली. झरीचो विकास करपा खातीर तांणी संबंदीत अधिकाऱ्यांक अहवाल तयार करपाक सांगलें.

श्री म्हाळसा नारायणी देवस्थान प्राकारात पुरातत्व आनी पुराभिलेख, उदकास्त्रोत, भौशीक बांदकाम, वीज आनी हेर खात्यांच्या सहभागान अनेक विकास कामां करपाची येवजण आसा.

श्री म्हाळसा नारायणी देवस्थान हे पुरातन इतिहासीक म्हत्व आशिल्लें देऊळ आसून थंय आध्यात्मिक पर्यटनाक वाव आशिल्ल्याचें मंत्र्यान सांगलें. साश्ट म्हालातले हे खुप पुरातन देवस्थान आसा. वरैण्यपूरी म्हूण वळखूपात येवपी वेर्णेच्या पठाराचेर श्री म्हाळसा नारायणी देवी प्रकट जाली अशीं मान्याताय आसा. देवस्थानचो विकास करपा खातीर पुराभिलेख खाते आनी श्री म्हाळसा नारायणी देवस्थान ट्रस्टामदीं करार जाल्लो आसा.

बसकेक पुराभिलेख खात्याचे संचालक निलेश फळदेसाय, श्री म्हाळसा नारायणी देवस्थान ट्रस्टाचे उपाध्यक्ष देविदास सराफ, वेवस्थापन ट्रस्टी प्रशांत देशपांडे, आर्किटेक्ट अभिजीत साधले आनी हेर सरकारी अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/570

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.